 Seat No. | | | | | |

Time : 2½ Hours

# KONKANI LANGUAGE II

Subject Code

| H | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|

Total No. of Questions : 8 (Printed Pages : 7) Maximum Marks : 80

**सुचोवण्यो :** (*i*) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** विधानांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 10

(क) 'नाटकाक गोल्यार रातचो सांबाळून यो रे बाळा'' !

(ख) ही माती हांगासल्लीच. ती म्हणू व्हरूं येता ?

(ग) 'फाल्यां तुका दोणों भरून हाडटां गे काके'.

(घ) आतां तुवेंच तो मानून घेवन कुरूकुलाचें कल्याण करपाचें स्त्रय घेवंक जाय.

2. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : 2

(अ) दिपकावणेक पांयांत जोतें घालून कित्याक वचनात ?

(आ) शिकपांतल्यान कसलो मनीस तयार जावपाचो हावेस आसता ?

(इ) वासुदेवबाबा विशीं लेखकाची कल्पना कितें आशिल्ली ?

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयात **:** 6

(अ) जिवीक आनी अ-जिवीक कोयराविशीं लेखक आमकां कितें सांगता ?

(आ) काळी न्हंयचेर पूल जावंचे आदी कोडीबाग बंदराक म्हत्व कित्याक आसलें ?

(इ) अब्दुल कलामाच्या भुरगेपणांत ताचेर कोणे कोणे संस्कार केले ?

(ई) डॉ. लोहियांनी सत्याग्रह करपाचो निर्णय घेतलो तेन्ना लोकांनी कशी प्रतिक्रिया व्यक्त केली ?

3. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** पद्यांशांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात **:** 8

(अ) दो रे मी फा ............

सा रे नी सा .............

(आ) शिरच्या पानां रंगला इडो ...

जीव माजोलो सैर भैर ......

(इ) पोर्सां मळे कसयतलों

सडयार फुलां फुलयतलों.

(ई) आतां फ्लॅटांनी सजल्यां शारां

शेजरा शेजराचीं बंद दारां.

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **30** ते **35** उतरांनी बरयात : 6

(अ) 'हाड चेडवा बुडकुलो' कवितेंत मोगी लग्ना संबदान आपलो विचार कसो मांडटा ?

(आ) कवी हरदत्त खांडेपारकार हाणी होळये रातीचें वर्णन खंयच्या उतरांनी केलां ?

(इ) झाडांची मुळां आनी मनशाची मुळां हांचे नातें कवीन कशे तरेन सुचीत केलां ?

(ई) मधु बसंताच्या आगमना उपरांत वाठाराभीतर खंयचो खंयचो बदल जाता ?

4. (क) सकयल दिल्लीं खंयचीय **चार** वाक्यां कंवसांत सुचयिल्ले प्रमाण बदलून बरयात : 4

(अ) कोण दुबळो म्हणत तुका ? (न्हयकारी करात)

(आ) आई म्हाका पेज वाडशी ? (आज्ञार्थी करात)

(इ) हेरकडेन जालां तें हांगा जावपाचें ना. (प्रश्नार्थी करात)

(ई) म्हज्या (भाव) हया सगळ्यांची अचूक म्हायती आशिल्ली.

(कंवसात दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

(उ) ताच्या पांयांची थरथर म्हाका जाणवल्ली. (वर्तमान काळांत बरयात)

(ख) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात : 2

(अ) सोहनाक समाजकार्याखातीर गांवांत <u>प्रसिद्धी आसा</u>.

(आ) आपल्या चल्याक पुलिसांनी धरून व्हेलां हें कळटकच विनिता <u>अजापीत जालें</u>.

(काळजार फातोर दवरप, नामना आसप, तटास जावप, साटली पोटली कवळप)

(ग) सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातीनी घालून विधान पुराय करून बरयात : 2

जिणेंत जें मेळटा ताचो स्वीकार ........................ तुका जें अपयश आयलां ते विसरून ...................... .

(वचप, पडप, करप, मानप)

5. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात : 3

(अ) गरीब

(आ) संभव

(इ) सत्य

(ई) हून

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांची विशेशणां करात : 3

(अ) वेव्हार

(आ) सत्याग्रह

(इ) भुरगेंपण

(ई) त्याग

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांची भावनामां करात : 3

(अ) फिशाल

(आ) मायेस्त

(इ) जापसालदार

(ई) मनीस

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** ओपारींचे अर्थ बरयात : 3

(अ) बोल्सांत ना दमडी, भोंवता सगली चावडी.

(आ) फेस्त करता गांव, पिरजेंतीचें नांव.

(इ) फुडलें जोत तशें फाटलें जोत.

(ई) दर्यांत आसा मासो, मोल करता पिसो.

(उ) तेंपा परमाणें माथ्यार कुरपणें.

6. (क) ड्रग्साचो तरनाट्यांचेर जावपी परिणाम ह्या विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/इश्टीणी वांगडा केल्लो संवाद **10** ते **12** वाक्यांनी बरयात. 5

(ख) हॉलीक्रॉस उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या 'नाट्य प्रशिक्षण कार्यशाळा'' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका/आपोवणें तयार करात. 5

7. (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :

नास्तीक देवाचें अस्तित्व मानिना. देवान ह्या विश्वाची आनी मनीस जातीची निर्मणी केली हाचेर ताचो विश्वास नासता. मनशान देव हे संकल्पनेक जन्म दिला अशें नास्तीक मानता. खूब जाणांक दिसता, हो मनीस नास्तीक जालां ताचें कारण, ताका ताचे जिणेंत वायट अणभव आयल्यात आसतले आनी देखून ताचो देवा वयलो विश्वास उडला आसतलो.

खंयचोय मनीस नास्तीक जाता तो खंयच्याय बऱ्या-वायट प्रसंगाखातीर न्हय. खूब व्हडल्या वैचारीक प्रवासा उपरांत मनीस नास्तीक जाता.

आस्तीक जावप सोंपें. संवसारांतलें चडशे लोक आस्तीक आसतात. आमच्या सगळ्यांच्या घरांतलें आनी सरभोंवतणचें वातावरण धर्मीक आसता. देव आसा, देव आमकां राखता, देवाक पांया. पडात, ताची पुजा करात, देव मागीर तुमकां पावता, हो विचार आवय-बापूय ल्हान भुरग्यांच्या मनाचेर दसयतात.

**प्रस्न :**

(*i*) नास्तीकांचो कित्याचेर विश्वास नासता ? 1

(*ii*) मनीस नास्तीक जाला अशें खूब जाणांक कित्याक दिसता ? 1

(*iii*) आमच्या घरांतलें आनी सरभोंवतणचें वातावरण कशें आसता ? 1

(*iv*) ल्हान भुरग्यांच्या मनाचेर आवय-बापूय कसलो विचार दसयतात ? 1

(*v*) उताऱ्याक फावोसो माथाळो दियात. 1

(ख) सकयल दिल्ली जायरात वाचून लॉरेन्स/लिशा फेर्नांडीस, घर नं 408 पैंगीण, काणकोण गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता, अशें समजून बरयात : 5

**गरज आसा**

उपसंपादक (SUBEDITOR)

| | | |
|---|---|---|
| शिक्षणीक पात्रताय | : | कला शाखेची पदवी |
| | | पत्रकारितेतलो कोर्स |
| | | संगणकाचें गिन्यान |
| | | अणभव-1 वर्स |

संपर्काखातीर

वेवस्थापक

भांगर भूंय

कांपाल पणजे गोंय

8. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विशयाचेर सुमार **250** उतरांनी निबंद बरयात : 8

(अ) रक्तदान श्रेष्ठदान

(आ) हांव........ शिकून बेरोजगार

(इ) भेसळ खाणां जेवणां, आमी जागे जातले केन्ना ?

(ई) आमचें गोंय आमी सांबाळुया.